राष्ट्रीय खबरो 06.10.2026 @ 8.40 AM

आकाशवाणी पणजी

मुखेल खबरो

- राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयच्यान तीन दिस हिमाचल प्रदेशाक भेट दितली.
- भारत आनी स्वित्झर्लंडान येरादारी, तंत्रज्ञान, मोबिलिटी सिस्टिम आनी मुळाव्या सुविधांचेर प्रोत्साहन आनी सहकार्य ह्या क्षेत्रांत जायत्यो कबलाती केल्यांत.
- वाणिज्य मंत्री पीयूष गोयल हांणी अमेरिकेंतल्या उद्देग फुडाऱ्यां कडेन मेळून भारतांत भागीदारी आनी गुंतवणूक घटमूट करपाच्या संदिचेर चर्चा केली.
- गोयात पर्वरीतल्या गोंय विधानसभा संकुलाच्या रुप्या महोत्सवानिमित्त 6 ते 9 ऑक्टोबर मेरेन वेगवेगळ्यो कार्यावळी आयोजीत केल्यात.
- दादल्यांच्या क्रिकेटांत भारत आनी वेस्ट इंडीज पंगडामदीं पांच मॅचींच्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय मालिकेची पयली मॅच आयज लखनौत जातली.

मुर्मू

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयच्यान तीन दिस हिमाचल प्रदेशाक भेट दितली. आयज बिलासपूरांत जावपी अखिल भारतीय वैजकी विज्ञान संस्थेच्या म्हळयार (एम्सच्या) पयल्या दीक्षांत कार्यावळीक राष्ट्रपती मुखेल सोयरी म्हूण हाजीर रावपाची आसात. दीक्षांत सुवाळ्या उपरांत राष्ट्रपती मनालीक वचपाक भायर सरतली.

राधाकृष्णन

उपराष्ट्रपती सी. पी. राधाकृष्णन आयज नवी दिल्लींत लाल बहादुर शास्त्री राष्ट्रीय संस्कृत विद्यापीठाच्या दुसऱ्या दीक्षांत समारंभात दीक्षांत भाशण करतले. आकाशवाणीच्या खबरां खात्या कडेन उलयतना विद्यापिठाचे कुलगुरू प्राध्यापक मुरली

मनोहर पाठक हांणी सांगलें,कि ह्या दीक्षांत समारंभात 1300 परस चड विध्यार्थी वांटो घेवपाची शक्यताय आसा. शिक्षणाच्या मळार उत्कृश्ट कामगिरी केल्ल्या तीन गुणवंत विद्यार्थ्यांक उपराष्ट्रपती ‘शंकर दयाल शर्मा पदक’ दितले अशें तांणी सांगलें. तशेंच ह्या कार्यावळींत 240 विद्यार्थ्यांक पीएचडी पदवी दितले, जाल्यार 2024, 2025 आनी 2026 ह्या तीन शिक्षणीक वर्सांच्या 60 विद्यार्थ्यांक भांगरा पदकां दितले.

## SEVA SANKALP

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी भौशिक लोकसेवेंतली 25 वर्सां पुराय करतात; हो प्रवास 'जनसेवेतल्यान राष्ट्रसेवा' या मंत्रान आणि अविरत समर्पणाच्या भावनेन घडला. सेवा आणि सुशासनाच्या याच दृष्टिकोनातल्यान प्रेरित जावन, सरकार २०४७ मरेन 'विकसित भारत' हे उद्दिष्ट साध्य करपाक अथक प्रयत्न करता. सर्वसमावेशक विकास आणि सामाजिक सक्षमीकरणाच्या माध्यमातल्यान ही निष्ठा लोकांचे जीवन बदलता. आजच्या आमच्या विशेष मालिकेत राम मंदिराच्या उभारणी ही दृश्टी कशी चालीक लायल्या हाची एक देख आमी तुमचे मुखार मांडतात. प्रभू श्रीरामांच्या जन्मस्थानार परत हक्क मेळोवपाखातीर हिंदूंनी पांच शेंकडे वाट पळयली. राम मंदिर हे अब्जांनी लोकांचें श्रद्धेचें केंद्रस्थान; थंय देवूळ बांदपाचें उतर पिळग्यांनी पाळ्ळां, जे ते मंदिर पळोवचे पयलीं ह्या सवसाराक अंतरलयात.फकत वादविवाद करचे परस कृती करपाक फावो अशें वातावरण तयार करपाचेर सरकारान लक्ष केंद्रीत केलां आनी न्यायालयाच्या निकालाक मान्यताय दिवची, शांतताय तिगोवन दवरची आनी प्रक्षोभक कृती टाळची अशें सगळ्या पक्षांक सातत्यान आवाहन केलां. नोव्हेंबर 2019 वर्सा

न्यायालयान एकमतान निकाल दित देवळाची सुवात थारायली.शांततायेन निवाडो मान्य केल्ल्यान सगळ्यांकच  अजापीत केले. उपरांत व्हडलोसो क्सलोच व्हड हिंसाचार जालो ना.५०० वर्सां उपरांत अयोध्याचे पवित्र भुंयेर हे संस्कृतायेक आपले हक्काचे स्थान मेळ्ळया.

PM SWISS

भारत आनी स्वित्झर्लंडान येरादारी तंत्रज्ञान, मोबिलिटी सिस्टिम, आनी मुळाव्या सुविधांचेर प्रोत्साहन आनी सहकार्य ह्या क्षेत्रांत जायत्यो कबलाती केल्यांत. विज्ञान आनी तंत्रज्ञान विभाग आनी ज्यूरिख युनिव्हर्सिटी ऑफ अप्लायड सायन्सेस हांचे मदीं नवोन्मेष, तंत्रज्ञान हस्तांतरण आनी उद्योजकतायेच्या सहकार्या खातीर अंमलबजावणी वेवस्था हाचेरय कबलात जाली. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी आनी स्वीस अध्यक्ष गाय पारमेलिन हांचे मदीं नवी दिल्लींत जाल्ले द्विपक्षीय वाटाघाटी उपरांत हयो  कबलात जाल्यात. स्वित्झर्लंडांत भारतीय निर्यातीक बाजारांत प्रवेश वाडोवपा खातीर आनी दोनूय देशांमदली गुंतवणूक आनीक सुलभ करपा खातीर भारत आनी स्वित्झर्लंडान जायते म्हत्वाचे निर्णय घेतल्यात अशें प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी म्हणला. **BYTE**

SITARAMAN

ह्या वर्सा भारत डिसेंबर मेरेन उण्यांत उणे आनीक तीन देशां वांगडा द्विपक्षी गुंतवणूक संरक्षण कबलात पुराय करतलो अशी अपेक्षा आसा. द्विपक्षी गुंतवणूक कबलातीं खातीर एक नवो नमुनो तयार आसा. तो चड गुंतवणूकदार स्नेही जावचो हे खातीर रोखडीच कॅबिनेट मान्यताय मेळपाची अपेक्षा आसा अशे नवी दिल्लींत म्यूनिख सुरक्षा परिशदेचेर उलयतना केंद्रीय अर्थमंत्री निर्मला सीतारामन हाणी म्हणला.

गोयल

वाणिज्य मंत्री पीयूष गोयल हांणी अमेरिकेंतल्या उद्देग फुडाऱ्यां कडेन मेळून भारतांत भागीदारी आनी गुंतवणूक घटमूट करपाच्या संदिचेर चर्चा केली. गोयल हांणी काल न्यूयॉर्कांत ब्लॅकस्टोनचे अध्यक्ष आनी सीओओ जोनाथन ग्रे, न्यूबर्गर बर्मनचे अध्यक्ष आनी सीईओ जॉर्ज वॉकर आनी द एस्टी लॉडर कंपन्यांचे अध्यक्ष आनी सीईओ स्टीफन द ला फेव्हर हांची भेट घेतली. तशेंच न्यूबर्गर बर्मनाचे अध्यक्ष आनी सीईओ जॉर्ज वॉकर हांचे सयत तांणी अँथनी ट्युट्रॉन, सीओओ अँड्रयू कोमारोफ आनी न्यूबर्गर मार्केट्साचे संवसारिक  मुखेली वेवस्थापकीय संचालक झेन नाकी हांचे कडेन फळादीक चर्चा केली. घटमूट मॅक्रो-इकॉनॉमिक आनी वाडपी भांडवल बाजारपेठ आशिल्ल्यान भारत अभूतपूर्व संदी आनी जागतीक संस्थात्मक गुंतवणूकदारांक दीर्घकाळ मोल निर्माण करपाची तांक दिता अशें तांणी सांगलें. तशेंच न्यूयॉर्कांतल्या द एस्टी लॉडर कंपन्यांचे अध्यक्ष आनी सीईओ स्टीफन द ला फेव्हर हांची गोयल हांणी भेट घेतली. गोयल जी-20 वेपार मंत्र्यांचे बसकेक हाजीर रावपा खातीर अमेरिकेच्या भेटीचेर आशिल्ले.

गोवा

गोयात पर्वरीतल्या गोंय विधानसभा संकुलाची रुप्या महोत्सवानिमित्त 6 ते 9 ऑक्टोबर मेरेन वेगवेगळ्यो कार्यावळी आयोजीत केल्यात. चार दिसांच्या कार्यावळींत लोकप्रतिनिधींचो सत्कार करतले. तशेंच छायाचित्र प्रदर्शना वरवी  विधानसभा संकुलाचो  सचित्र इतिहासय मांडतले. आयज सांजवेळा 4 वरांचेर विधानसभा संकुलांत रुप्याच्या महोत्सवाच्या सुवाळ्याचें उक्तावण जातलें. उक्तावण सुवाळ्यांत लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला आनी गोंयचे  राज्यपाल पुसापती अशोक गजपती राजू मुखेल

सोयरे आसतले. मुख्यमंत्री डॉ.प्रमोद सावंत, संसदीय वेव्हार मंत्री माविन गुदिन्हो आनी विरोधी पक्ष फुडारी युरी आलेमाव हेय या कार्यावळीक हाजीर आसतले. ह्या निमतान विधानसभा इमारतीच्या स्मरणार्थ एक विशेष टपाल तिकीट आणि विशेष आवरण (special cover) जारी करतले. तशेंच यादस्तीक आनी 'कॉफी-टेबल पुस्तकाचेय प्रकाशन जातलें. हे सगळे कार्यक्रम चारूय दिसांनी लोकां खातीर उक्ते आसतले. समारोप सुवाळ्या खातीर केरळमचे राज्यपाल राजेंद्र अर्लेकार मुखेल सोयरे आसतले.

पोटवेंचणुक

तमिळनाडू, पुडुचेरी, आनी अस्तंत बंगालांतल्या पांच विधानसभा मतदारसंघांनी तशेंच आसामांतल्या एका लोकसभा मतदारसंघांत पोटवेंचणुके खातीर मतदान सुरू जालां. तमिळनाडूंतल्या मदुरांतकम आनी धरपुरम विधानसभा मतदारसंघ, पुडुचेरीच्या थट्टांचवडी, अस्तंत बंगालांतल्या रेजिनगर आनी नंदीग्राम ह्या मतदारसंघांचेर मतदान सुरू आसा. आसामांतल्या नागांव लोकसभा मतदारसंघा खातीरय मतदान सुरू आसा. शुक्रारा मतमेजणी जातली.

राजनाथ

संरक्षण मंत्री राजनाथ सिंग आयज ओडिशा हांगा हिंदुस्तान एरोनॉटिक्स लिमिटेडच्या कोरापूत विभागान तयार केल्ल्या 2 हजारव्या एरो इंजिनाच्या हस्तांतरण सुवाळ्याक हाजीर रावपाचे आसात. भारताच्या एरोस्पेस आनी संरक्षण उत्पादन क्षमतेंतूय एचएएल

कोरापुटाचें योगदान आनी फाटल्या स दशकांत सशस्त्र दळांची कार्यकारी तयारी हांचे प्रतीक ही कार्यावळ आसतली अशें संरक्षण मंत्रालयान सांगलें.

क्रिकेट

दादल्यांच्या क्रिकेटांत भारत आनी वेस्ट इंडीज हांचे मदीं पांच मॅचींच्या टी-20 आंतरराष्ट्रीय मालिकेची पयली मॅच आयज लखनौ हांगाच्या ‘भारत रत्न श्री अटल बिहारी वाजपेयी एकाना क्रिकेट स्टेडियमार जातली. मॅच सांजे 7क सुरू जातली.

वेदर

भारतीय हवामान खात्यान आज केरळम, माहे, दक्षिण अंतराळ कर्नाटक तशेंच तमिळनाडू, पुडुचेरी आनी कराईकल हांगा व्हड प्रमाणांत पावस पडपाचो अदमास काडला.

आनी आता परतून एक फावट काय मुखेल खबरो

राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू आयच्यान तीन दिस हिमाचल प्रदेशाक भेट दितली.

भारत आनी स्वित्झर्लंडान येरादारी तंत्रज्ञान, मोबिलिटी सिस्टिम, आनी मुळाव्या सुविधांचेर प्रोत्साहन आनी सहकार्य ह्या क्षेत्रांत जायत्यो कबलाती केल्यांत.

गोयात पर्वरी हांगाच्या गोंय विधानसभा संकुलाची रुप्या महोत्सवानिमित्त 6 ते 9 ऑक्टोबर मेरेन वेगवेगळ्यो कार्यावळी आयोजीत केल्यात.

आनी इतल्यान ह्यो राष्ट्रीय खबरो सोपल्यो आमच्यो मुखावेल्यो राष्ट्रीय खबरो आयकात आयज सांजेच्या 6 वरा 30 मिनटाचेर ...